**दक्षीण गोंयांत मतदार प्रतिज्ञा आनी हॉटेलांनी ऑफर उपक्रम**

ता. 11 फेब्रुवारी २०२२

14 फेब्रुवारीक गोंय विधानसभा वेंचणूकेत 100 टक्के मतदान जावचे खातीर जिल्हा वेचणूक अधिकारी, दक्षिण गोंय हांणी SVEEP उपक्रमाचो एक भाग म्हूण मतदार प्रतिज्ञा आनी ह्या उपक्रमात भागीदार रेस्टॉरंट्साकडल्यान ऑफर सुविधा उपलब्ध केल्या.

त्या खातीर https://csssg.goa.gov.in/pledge/ हो पोर्टल तयार केल्लो आसून जंय मतदाराक कोंकणी, मराठी आनी इंग्लीश भाशेंत प्रतिज्ञा घेवपाची सुविधा उपलब्ध केल्या.

एका क्लिकाचेर मतदार आपली प्रतिज्ञा पोर्टलाचेर नोंद करपाक शकता. मतदारांक दक्षिण गोंय जिल्ह्यातल्या 73 रेस्टॉरंट्सांनी दिल्ली सवलत लेगीत पळोवपाक मेळटा आना 14 फेब्रुवारी 2022 दिसा ह्या रेस्टॉरंट्सांनी वचून तांचो लाव घेवपाक मेळटलो. मतदारांनी मतदान केला हाचो पुरावो म्हुण फकत शाय लायिल्ले बोट दाखोवपाचे आनी ऑफरीचो लाव घेवपाचो. वेब पोर्टलाच्या QR कोडासयत एक पोस्टर लेगीत प्रदर्शित करपाखातीर रेस्टॉरंटांक दिला.

दक्षिण गोंयांतल्या सगळ्या मतदारांक आवाहन केला की तांणी QR कोड स्कॅन करचो वा वेब पोर्टलाचेर वचून आपली प्रतिज्ञा नोंद करची आनी वेंचणूकेत मतदान करचे. पोर्टलाची लिंक दक्षिण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयाच्या southgoa.nic.in वेबसायटीर लेगीत उपलब्ध आसा.

७३ रेस्टॉरंटांची यादी https://csssg.goa.gov.in/pledge/ ह्या वेबसाइट/लिंकाचेर उपलब्ध आसा. तांतूत Cremeux bakeries pvt ltd, Cafe चाय कॉफी, नवतारा व्हेज रेस्टॉरंट, कृष्णा व्हेज मल्टी क्युझिन रेस्टॉरंट, शारदा रेस्टॉरंट, वाह मोमो फूड्स प्रायव्हेट लिमिटेड, पेस्ट्री पॅलेस, वाह मोमो फूड्स प्रायव्हेट लिमिटेड, द रसोडा, द फिशरमन्स वॉर्फ, रेड जिंजर, कोलवा, देसी कपा, हरमन चहावाला, बिग मिश्रा पेडा, डोमिनोस पिझ्झा, केंटुकी रेस्टॉरंट, बेक्ड फ्यूजन ह्यासारख्या आउटलेटांचो आस्पाव आसा. ही आउटलेटस् मतदानाच्या दिसा पोर्टलाचेर प्रदर्शीत केल्लेप्रमाण सवलत दितली. मतदारांनी आनी खास करून युवा मतदारांनी उमेदीन मतदानात सहभागी जावचे हे खातीर हो SVEEP उपक्रम आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/107

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji